देवश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  16.12.2025 @ 8.40 AM

नमस्कार आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक कबरा विभागा वरवी devashri kamat तुमका राष्ट्रीय खबरो दीत.

हयो आसात काय मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान कर्नाटक, तमिळनाडू आनी तेलंगना हांगा सात दिसांच्या भोंवडेर वतली
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अम्मानांत जॉर्डनाचे  राजा अब्दुल्ला द्वितीय बिन अल हुसेन हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पांवड्यार उलोवणी केली.
- 1971 वर्साच्या झुजांत पाकिस्तानाचेर भारतान मेळईल्ल्या जैताचो उगडास करपा खातीर आयज देशांत विजय दिवस मनयतात.
- 19 वर्सां सकयल्या आशिया कप क्रिकेटांत आयज दुबयच्या सेव्हन्स स्टेडियमांत भारत आनी मलेशिया आनी मलेशिया हांचे मदीं खेळ जातलो.

मुर्मू 25

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान कर्नाटक, तमिळनाडू आनी तेलंगना हांगा सात दिसांच्या भोंवडेर वतली. आदिजगद्गुरू श्री शिवरथेश्वर शिवयोगी महास्वामीजीच्या EK HAZAR सासष्टव्या जयंती सुवाळ्याचें आयज कर्नाटकांतल्या मालवल्ली हांगा ती उक्तावण करतली

राष्ट्रपती 40

मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांका  सगळ्या राज्य विद्यापिठांची कुलगुरू करपाचो प्रस्ताव आशिल्ल्या अस्तंत बंगाल विद्यापिठ कायदे (दुरुस्ती) विधेयक, 2022 क राष्ट्रपती

द्रौपदी मुर्मू हाणी आपली संमती दिवंक ना. सद्याचे पद्दती प्रमाण बंगालचे राज्यपाल सी.व्ही. आनंद बोस हे सगळ्या राज्य विद्यापिठांचे कुलगुरू आसात.

मोदी 160

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमान अशा तीन राश्ट्रांच्या भोंवडेर आसात. जॉर्डनचे राजा अब्दुल्ला द्वितीय बिन अल हुसेन हाच्या आमंत्रणावेल्यान प्रधानमंत्री जॉर्डनांक गेल्यात. मोदी हांची ही भेट दोनूय देशां मदीं राजनैतिक संबंद स्थापन जाल्ल्याच्या पंचात्तराव्या वर्धापन दिसा निमतान जाता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अम्मानांत जॉर्डनाचे राजा अब्दुल्ला द्वितीय बिन अल हुसेन हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पांवड्यार उलोवणी केली. दोनूय देश राजनैतिक संबंदांचे पंचात्तर वर्सां पुराय करपाची तयारी करतात तेन्ना दोनूय राश्ट्रां मदल्या लागींच्या भागीदारीचेर ह्या उलोवपांत भर दिलो. आतंकवाद, अतिरेकी आनी कट्टरपणा आड जॉर्डनाच्या ठाम भूमिकेची प्रधानमंत्री मोदी हांणी तोखणाय केली आनी आतंकवादाक आडावपा खातीर भारत आनी जॉर्डन हांचे मदीं एक समान पद्दत आसा अशें अधोरेखित केलें.

अम्मान सावन प्रधानमंत्री इथिओपियाची राजधानी आदीस अबाबाक वतले. इथिओपियाचे प्रधानमंत्री डॉ.अबीय अहमद अली हांचे कडे आदीस अबाबांत ते सविस्तर चर्चा करतले.ह्या भोंवडेच्या निमाण्या पावडयार ते ओमानाची राजधानी मस्कटाक पावतले. हे भेटींतल्यान भारत आनी ओमान हांचे मदल्या राजनैतिक संबंदाक सत्तर वर्सां पुराय जातली. मस्कटांत मोदी ओमानाच्या सुलताना कडेन उलोवणी करतले आनी ओमानांतल्या भारतीय समाजाच्या मेळाव्यात उलयतले.

किरेन 90

काल नवी दिल्लींत जाल्ले काँग्रेसीचे रॅलींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या विरोधात दिल्या आक्षेपार्ह घोशणांचो संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी  निशेध केला. काँग्रेसीचे अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे आनी विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधीन लोकसभा आनी राज्यसभा ह्या दोनूय वेळार देशाची माफी मागची अशें तांणी सांगलें. BYTE किरेन

विरोधकांक दुस्मान न्हय तर राजकी प्रतिस्पर्धी मानचो असो सल्लो प्रधानमंत्री मोदी हाणी  सदांच पक्ष फुडाऱ्यांक दिला अशें तांणी सांगलें.

हे विशी निशेध उक्ताय्ताना  राज्य सभेचे फुडारी जे पी नडडा हाणी म्हणले byte NADDA

SIR 35

खाशेल्या सघन सुदारणा (SIR) च्या पयल्या टप्प्या खाला तयार केल्ली वेंचणूक वळेरी आयज अस्तंत बंगालांत जाहीर जातली. वेंचणूक वळेरी मसुदो जाहीर जावचे पयलीं आयोगान खाशेल्या वेंचणूक नोंदी निरिक्षकांची नेमणूक केल्या, जे राज्यांतल्या जायत्या विधानसभा मतदारसंघांतल्या कामाची बारीकसाणेन छाननी करतात.

विजय 70

एकोणीशे एक्यात्तर  वर्साच्या झुजांत पाकिस्तानाचेर भारतान मेळईल्ल्या जैताचो उगडास करपा खातीर आयज देशांत विजय दिवस मनयतात. दर वर्सा ह्या दिसा देशांत त्या धाडसी सैनिकांच्या सर्वोच्च बलिदानाची याद करता, जाची कथा दरेका भारतीयाक प्रेरणा दिता आनी राश्ट्रीय अभिमानाची स्त्रोत आसात. १९७१ वर्साच्या ह्या दिसा पाकिस्तानाचो लश्करी मुखेली जनरल ए. खान नियाझीन त्रयाणवहजार

सैनिकांवांगडा भारतीय सैन्य आनी मुक्ती वाहिनी हांचो आस्पाव आशिल्ल्या इश्ट राश्ट्रांच्या सैन्याकडेन बिनशर्त आत्मसमर्पण केले. ह्या झुजाच्या शेवटाक लागून उदेंत पाकिस्तान वेगळें जावन बांगलादेशाची निर्मिती जाली.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात

आता मुखवेलयो खबरो

सीतारामन 90

संवसारीक वाढीच्या 3.2 टक्क्यांच्या तुलनेत भारत 8.2 टक्के वाढीच्या दरा सयत सगळ्यांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था म्हणून उदेता अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. दरेक जागतीक संस्था चालू अर्थीक वर्सा देशा खातीर वाडिचो अदमास वाडयता अशें ताणी सांगलें. 2025-26 वर्साच्या पूरक मागण्यांक जाप दितना काल लोकसभेंत तानी हें सांगलें. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनल्ड ट्रम्प हांणी देशाचे अर्थवेवस्थेचेर केल्ल्या नकारात्मक टिप्पण्यांक जाप मागपी विरोधकांचेर टिका करतना अर्थमंत्र्यान भारताक तीन मुखेल जागतीक संस्थां - dbrs , एस अँड पी आनी r अँड आय कडल्यान रेटिंग अपग्रेड मेळ्ळां आनी भारतान आपल्या टिकाकारांक चुकीचें सिद्ध केलां हाचेर भर दिलो.

नायडू 30

विमान भाड्याचेर बारीक नदर दवरपा खातीर dgca खाला काम करपी 'टॅरिफ monitoring युनिट आनीक घटमूट करतले अशें राज्यसभेंत प्रश्नोत्तराच्या वराक

पूरक प्रस्नांक जाप दितना केंद्रीय नागरी विमान येरादारी मंत्री राममोहन नायडू हांणी सांगलें

## ड्रोन 70

भू प्रणालीं खातीर देशी ड्रोन क्षमताक गती दिवपा खातीर भारतीय लश्करान समजीकायेच्या कबलातीचेर सय केल्या, जाचें समन्वय सिकंदराबादांतल्या 515 लश्करी तळ कार्यशाळे वरवीं जातलें. हे भागीदारींत परिचलन गरजो आणि स्वदेशी उत्पादन उद्दिष्टांकडे सुसंगतपनान ड्रोन तंत्रगिन्यानाचें मुल्यांकन ते प्रत्यक्ष क्षेत्रात समावेश आणि विस्तारा मेरेनचो मार्ग निश्चित करता. ह्या एमओयूंत ड्रोन उत्पादनांत तंत्रगिन्यानाचें एकीकरण करपाचेर भर दिला, खास करून आयसी इंजिनाचेर आदारित ड्रोन आनी gps नाशिल्ल्या वातावरणांत काम करपाक सक्षम अशीं प्रणालींचेर भर दिला .

## स्पोर्ट्स 90

19 वर्सां सकयल्या आशिया कप क्रिकेटांत आयज दुबयच्या सेव्हन्स स्टेडियमांत भारत आनी मलेशिया हांचे मदीं खेळ जातलो. सकाळीं 10:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.आयतारा दुबयंत जाल्ले दुसरे मॅचींत आयुष म्हात्रेच्या फुडारपणा खाला आशिल्लो भारतीय पंगड पाकिस्तानाक 90 धांवड्यांनी हारायले उपरांत आपलो जैताचो क्रम चालू दवरपाचो यत्न करतलो. एरन जॉर्जान आठयायशी चेंडूंनी पांच्यायशी धांवड्यो केल्यो आनी ताका लागून भारताक 240 धांवड्यो मेळ्ळयो. . प्रत्युत्तरात भारतीय गोलंदाजांनी यजमान पंगडाक फक्त देडशे धांवड्यचेर आडायले.यजमान युएई, पाकिस्तान आनी मलेशिया हांचे वांगडा भारताक ‘अ’ गटांत दवरला. दुसरे वटेन बांगलादेश, श्रीलंका, अफगाणिस्तान आनी नेपाळ ‘ब’ गटांत सर्त करतात.

वेदर 90

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेश आनी उत्तर प्रदेशात दाट ते सामके दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. फाल्यां सकाळ मेरेन पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली आनी हिमाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी दाट धुकें तिगून उरतले अशें आयएमडीन सांगलां. फुडले तीन ते चार दीस ईशान्य भारतांत अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन दिसांत वायव्य भारतांतलें उण्यांत उणें तापमान ल्हव ल्हव दोन अंश सेल्सियस उणें जातलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला . ह्या म्हयन्याच्या 18 तारखे मेरेन तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर काय सुवतिनि गडगड आनी वाऱ्या वांगडा धुमशेण येवपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां.

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान कर्नाटक, तमिळनाडू आनी तेलंगना हांगा सात दिसांच्या भोंवडेर वतली
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अम्मानांत जॉर्डनाचे राजा अब्दुल्ला द्वितीय बिन अल हुसेन हांचे कडेन प्रतिनिधी मंडळ पांवड्यार उलोवणी केली.
- 1971 वर्साच्या झुजांत पाकिस्तानाचेर भारतान मेळईल्ल्या जैताचो उगडास करपा खातीर आयज देशांत विजय दिवस मनयतात.
- 19 वर्सां सकयल्या आशिया कप क्रिकेटांत आयज दुबयच्या सेव्हन्स स्टेडियमांत भारत आनी मलेशिया आनी मलेशिया हांचे मदीं खेळ जातलो.